11.11.25 AT 6.30 PM

PANAJI

NATIONAL NEWS

दिल्लीत जाल्या भयानक घडणुकेचो कट रचलेल्यांक सोडचे ना आणि जबाबदार आशिल्यांक ख्यास्त जातलीच अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी म्हणला. भूतानात थिंपू हांगा एका कार्यक्रमत उलयताना मोदी हाणी म्हणले की, काल पूराय रात या घडणुकेची चौकशी करपी एजन्सींच्या आपुण संपर्कात आशिल्लो आनी ह्यो एजन्सी या कटाच्या सामके तळा मेरेन वतली अशी आपणाक खात्री आसा .

आज आपुण खूप जड अंतःकरणान भूतानात आयला आणि काल सांजे दिल्लीत घडलेल्या घडणुकेन सगळयांक अस्वस्थ केला. आपुण पीडित कुटुंबांचे दुःख समजता आणि पूराय राष्ट्र तांचे वांगडा उभे आसा. आजचो दिस भूताना खातीर भूतानच्या राजघराण्या खातीर आणि जागतिक शांततेर विश्वास दवरपी लोकांखातीर खूप महत्त्वाचो आसा. शेकड्यान शेकडो भारत आणि भूतानमधले संबंध खूप खोल, सौहार्दपूर्ण आणि सांस्कृतिक आसात म्हणून या महत्त्वाच्या प्रसंगार सहभागी जावप ही भारताची आणि तांची एक वचनबद्धता अशे मोदीनी म्हळे.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी आयज नवी दिल्लींतल्या आपल्या राबित्या घराकडे उच्च पांवड्यावेली सुरक्षा नियाळ बसका घेतली. काल सांजवेळा दिल्लीच्या लाल किल्ल्या लागसार जाल्ल्या गाडयेच्या स्फोटा उपरांत परिस्थितीचो तांनी नियाळ घेतलो . हे बसकेंत केंद्रीय गृह सचीव, गुप्तचर ब्युरोचे संचालक, दिल्ली पुलीस आयुक्त, आनी राष्ट्रीय तपास एजन्सीचे महासंचालक हाजीर आशिल्ले . जम्मू-काश्मीराचे पुलीस महासंचालक आभासी पद्तीन हे बसकेंत सामील जाले. गृह मंत्रालयान हे घडणुकेची चवकशी राष्ट्रीय तपास एजन्सी (NIA ) कडेन दिल्या. शारांतल्या सगल्या संवेदनशील वाठारांनी सुरक्षा कडक केल्या.

भारतान तंत्रज्ञानाच्या अवलंबनापासून नेतृत्वाकडे निर्णायकपणान वाटचाल करपाक जाय,फुडारात नवोपक्रमाची गती निश्चित करपाक जाय हाचेर संरक्षणमंत्री राजनाथ सिंग हांणी भर दिला. भारताची ताकद प्रतिभा, कल्पना आणि भागीदारीच्या परिसंस्थेत, तरनाटे कर्मचारी आणि एक उत्साही, जोखीम घेवपी स्टार्ट-अप संस्कृती समाविष्ट आसा अशे तांणी म्हणाले. देशाक फक्त नवीन तंत्रज्ञान आत्मसात करपाची गरज ना, तर तंत्रज्ञानाची भरभराट

जावुक शकता अशी परिस्थिती निर्माण करपाची आवश्यकता आसा. तांणी अधोरेखित केले की देशाची संरक्षण-औद्योगिक बुन्याद नवीन आत्मविश्वास आणि दिशा स्पष्टते सयत विस्तारता. डीआरडीओ, भारतीय सशस्त्र दल, उद्योग आणि शैक्षणिक संस्था हांचे मदलो समन्वय अधिक खोल जाता आणि संशोधन, चाचणी, फील्ड फीडबॅक आणि नवोपक्रमाचे एक सदगुणी चक्र तयार करता अशे ताणी म्हळे.

आयज हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, उत्तर प्रदेश, उदेंत मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, अस्तंत मध्य प्रदेश, झारखंड आनी ओडिशा हांगा थंडीची ल्हारां पातळपाची शक्यताय आसा अशें भारतिय हवामान खात्यान सांगलां. हवामान खात्यान फुडले दोन दीस केरळ, माहे, लक्षद्वीप, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांहांगा हलको ते मध्यम प्रमाणात पावस आनी गडगड मारपाचो अदमास उक्तायला .

नवी दिल्लींत बायलांच्या टी-20 वर्ल्ड कप फॉर द ब्लाइंडाची पयली आवृत्ती सुरू जाली. भारत, श्रीलंका, अमेरिका नेपाळ, ऑस्ट्रेलिया, पाकिस्तान अशे स पंगड ह्या सर्तींत वांटो घेतात. सुरवातीची मॅच भारत आनी श्रीलंका हांचे मदीं आसा

भारत आनी श्रीलंकेन संयुक्तपणान येजमानकी केल्ली ही सर्त ह्या म्हयन्याचे 23 मेरेन चलतली. फायनलीचो खेळ श्रीलंकेच्या कोलंबो शारांत जातलो . उक्तावण सुवाळयांत आदले केंद्रीय मंत्री अनुराग ठाकुर आनी मीनाक्षी लेखी हाजीर अशिल्ली .